**दिव्यांग श्रेणींतल्या राज्य पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 19 ऑक्टोबर 2023

समाज कल्याण संचालनालयान दिव्यांग श्रेणींत उत्कृश्ठ मालक (एक पुरस्कार), उत्कृश्ठ बिगर सरकारी संस्था (एक पुरस्कार) आनी उत्कृश्ठ कर्मचारी (तीन पुरस्कार) राज्य पुरस्कार भेटोवपा खातीर दिव्यांग मालक, बिगर सरकारी संस्थां आनी दिव्यांग कर्मचाऱ्यां कडल्यान विहित नमुन्यातल्यान अर्ज मागयल्यात.

उत्कृश्ठ दिव्यांग कर्मचारी श्रेणीत दोळ्यांनी न दिसप, उलोवपाक न येवप आनी आयकुपाक न येवप अशा वर्गात प्रत्येकी एक पुरस्कार दितले. रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी शाल अशें पुरस्कारांचे स्वरूप आसा.

विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी आनी जिल्हा समाज कल्याण कार्यालय, माथानी साल्डाना प्रशासकीय प्रकल्प, मडगांव हांगा फुकट उपलब्ध आसात. पुराय भरिल्ले अर्ज राजपत्रीत अधिकाऱ्यान प्रमाणीत केल्ल्या आवश्यक दाखल्यांच्या प्रती सयत ता. 17 नोव्हेंबर 2023 मेरेन समाज कल्याण संचालनालयांत पावपाक जाय. हे पुरस्कार 19 डिसेंबर 2023 दिसा गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं भेटोवपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/818

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.